Panaji

Regional News

14th October 2026 7:20 pm

गोंय आनी कर्नाटक हांच्यामदल्या रेल्वे जोडणेक आता आनीक बळगे मेळ्ळा. मडगांव–मंगळुर वंदे भारत एक्सप्रेस बेंगळुर मेरेन वाडोवपाचो निर्णय घेवन, ही गाडी आतां यशवंतपूर मेरेन धांवतली. विस्तारित सेवा रेल्वे गाडी क्रमांक २६६५५ आनी २६६५६, यशवंतपूर–मंगळुर–मडगांव वंदे भारत एक्सप्रेस ह्या नावान धांवतली. ह्या गाडयेच्यो वेळापत्रकांतय बदल जातले.
ह्या विस्तारा वरवीं बेंगळुर आनी गोवा हांच्यामदली रेल्वे जोडणी सुदारतली. तशेंच हसन, मंगळुर, उडुपी आनी कारवार ह्या दर्यादेग वाठातल्या म्हत्वाच्या सुवातींनी प्रवास करपी प्रवाशांकय फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ह्या सेवेखातीर पर्यटक, व्यापारी, विद्यार्थी आनी भाविकांक बेंगळुर, दर्यादेग वाठारातले कर्नाटक आनी गोंय हांच्यामदी प्रवास करपाक चड सोयीचें जातलें. तशेंच, ह्या रेल्वे सेवेखातीर पर्यटनाक आनी वेपारी संबंधांकय चालना मेळटली.

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान गोंयांत २०२७-२८ ह्या शैक्षणीक वर्सा सावन ५० एमबीबीएस सीटां सयत नवें वैद्यकीय म्हाविद्यालय सुरू करपाक मान्यताय दिल्या.
मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या निर्णयाचें स्वागत करून, गोंयाक नवरात्रीची ही खास भेट दिवपी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी केंद्रीय आरोग्य मंत्री जे. पी. नड्डा हांचे आभार मानल्यात.ह्या नव्या वैद्यकीय म्हाविद्यालयाखातीर गोंयांत वैद्यकीय शिक्षण घेवपाची इच्छा आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक आणखी संदी उपलब्ध जातली. तशेंच, एमबीबीएस प्रवेशाखातीर आसनांची उपलब्धताय वाडपाक मदत जातली आनी वैद्यकीय क्षेत्रांत करियर करपाचें सपन पळोवपी विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहन मेळटलें अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. राज्यांत वैद्यकीय शिक्षणाच्या सुविधा वाडोवप आनी भावी डॉक्टरांक घडोवपाच्या दिशेन हो एक म्हत्त्वाचो पांवडो मानतात अशे तांणी म्हळा. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या मान्यताये खातीर केंद्र सरकाराचे आभार मानले आनी ह्या उपक्रमाक गोंयाच्या वैद्यकीय शिक्षण क्षेत्राखातीर म्हत्त्वाचें यश म्हणला.

गोंय राज्य शैक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान नॅशनल मिन्स-कम-मेरिट स्कॉलरशिप फावा जाल्ल्या विद्यार्थ्यां खातीर नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टलार अर्जाचें नुतणीकरण करपाची मुजत वाडोवन दिल्या. केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयाच्या NMMSS विभागान ही मुदतवाढ दिली आसा. फाटल्या वर्सा ज्या विद्यार्थ्यांनी NMMS स्कॉलरशिप खातीर अर्ज केला तातूंतल्या जायत्या विद्यार्थ्यांनी अजूनय चालू वर्सा खातीर अर्जाचें नुतणीकरण करूंक ना, ही गजाल लक्षांत घेवन हे सुधारीत वेळापत्रक जारी केला. विद्यार्थ्यांनी अर्जाचें नुतणीकरण करपाची निमणी तारीख: ३१ आक्टोबर २०२६ संस्थेन पडताळणी करपाची निमणी तारीख: १५ नोव्हेंबर २०२६ जिल्हा नोडल अधिकाऱ्यान पडताळणी करपाची निमणी तारीख: ३० नोव्हेंबर २०२६

मुदतवाढ दिवनूय जर काय विद्यार्थी अर्जाचें नुतणीकरण करपाक चुकले, तर ताची पुराय जापसालदारकी संबंदीत शाळेची आसतली. सगळ्या सरकारी आनी अनुदानित हायस्कूलां आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयांच्या मुख्याध्यापकांनी संबंदीत विद्यार्थ्यांक आनी संस्थेच्या नोडल अधिकाऱ्यांक बेगोबेग गरज ती पावला उखलपाक सांगचे अशे गोंय राज्य शैक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाच्यो संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी कळीत केलां.

दिवचल भाजप युवा मोर्चाचे वतीन आयतार 18 ऑक्टोबर 2026 या दीसा दिवचल शहरात विकसित दिवचल रन हे कार्यावळीचें आयोजन केला. ही माहिती दिवचल भाजप युवा मोर्चाच्या जाळवणरांनी दिली. ह्यावेळार दिवचल भाजप मंडळाचे अध्यक्ष डॉक्टर कौस्तुभ पाटणेकर, सरचिटणीस संजय शेटये, अरुण नाईक आनी हेर मानेस्त हजर आशीले .प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या पुढारपणाखाला विकसित भारत आनी मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांच्या पुढारपणाखाला स्वयंपूर्ण गोंय ची सोबीत संकल्पना पुराय करपाखातीर तरणाट्यांचो व्हड प्रमाणात वांटो आसप ही काळाची गरज आसा आनी हाकाच लागून विकसित बिचोलीन रन हे कार्यावळीचे आयोजन केला म्हणपाची माहिती डॉक्टर कौस्तुभ पाटणेकर हाणीं दिली.

हस्तकला महामंडळ आनी बोरी जिल्हा पंचायत सदस्या पूनम सामंत हांच्या सहकार्यान निरंकाल हांगा महिलां खातीर फुलां आनी तोरणां तयार करपाचें प्रशिक्षण वर्ग सुरू करपांक आयलां. निरंकाल हांगाच्या डॉ. लोहिया मैदानावेल्या सभा कक्षांत सुरू केल्ल्या ह्या वर्गाचें उक्तावण जिल्हा पंचायत सदस्या पूनम सामंत हांच्या हस्तुकीं जालें. ह्या वेळार सरपंच अक्षय गावकर, पंच सदस्य चंद्रकांत सामंत, प्रशिक्षिका पिंकी शिरोडकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. आजच्या काळांत महिलांनी उद्योजक जावप गरजेचें आसा. आर्थिक स्वावलंबन होच महिला सक्षमीकरणाचो पाया आसा, अशें पूनम सामंत हांणी ह्या वेळार सांगलें. ग्रामीण महिलांक प्रशिक्षित करून स्वावलंबी आनी आत्मनिर्भर करपा खातीर हो वर्ग सुरू केल्लो आसा आनी ताचो लाव घेवचो, अशें आवाहन करून फुडल्या म्हयन्यांत शिवण वर्ग सुरू करपाचो मानस तांणी उक्तायल्लो. महिलांनी आत्मविश्वासान स्वताहून फुडें येवचें, अशें अक्षय गावकर म्हणलें. प्रशिक्षिका पिंकी शिरोडकर हांच्या मार्गदर्शना खाला हो वर्ग म्हयनोभर चलतलो. सुत्रसंचालन चंद्रकांत सामंत हांणी केलें.

गोंय पुलीस खात्यावतीन 21 ऑक्टोबराक पुलीस स्मृती दीस पाळटले. पणजे पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर सकाळी 8.00 वरांचेर ही कार्यावळ जातली. ह्या दिसा राष्ट्र आनी नागरीकांची सेवा करतना आपलो जीव वगडायिल्ल्या पुलीस कर्मचाऱ्यांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले. दर वर्सा 21 ऑक्टोबर दिसा राष्ट्र आपल्या मायभूंयेच्या अखंडतायेची राखण करतना जम्मू-काश्मीरातल्या हॉट स्प्रिंग्स वाठारांत मरण आयिल्ल्या धा शूर पुलीस जवानांच्या बलिदानाचे स्मरण करता. अक्साई चिन शिम वांठारातल्यान भारतीय हद्दीत प्रवेश करून सशस्त्र चिनी सैनीकांनी केल्ल्या हल्ल्यात ह्या पुलीस कर्मचाऱ्यांक मरण आयिल्लें. ह्या शूर सैनिकांच्या

बलिदानाबद्दल शोक व्यक्त करपाखातीर देशांत 1960 वर्सा उपरांत देशातल्या सगळ्यां पुलीस संघटनांच्या मुखेल्यांनी समाज आनी देशाची सेवा करतना मरण येवपी पुलीस जवानांच्या उगडासाक दर वर्सा 21 ऑक्टोबर ह्या दिसा पुलीस स्मृती दिस म्हूण पाळपाचो निर्णय घेतलो. गोंय पुलीस लेगीत गोंयच्या लोकांची निस्वार्थपणान सेवा करतात आनी अशी सेवा करतना तांणी आपलो जीव वगडायिल्लो आसा. पुलीस स्मृती दिसा हेड कॉन्स्टेबल सर्गेस्त बलराम बी. शिंदे, पुलीस उपनिरीक्षक सर्गेस्त अभिषेक शेर-अली परवेज गोम्स, पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त शैलेश के. गांवकर आनी पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त विश्वास बी. देयकर हांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

भारतीय हवामान खात्याच्या पणजी वेधशाळेन दिल्ल्या अदमासाप्रमाण गोंयांत फुडले सात दिस पावसाची शक्यताय नासून उश्ण आनी दमट हवामान आसतले असो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला.